# वैजकीय मळार सतत नवीन संशोधन जावपाची गरज- आयुषमंत्री

ता. 17 फेब्रुवारी 2020

वैजकीय मळार सतत नवीन संशोधन आनी प्रयोग जावपाची गरज आसा, जेणे करून आमकां भलायकीच्या मळावयल्या येणाऱ्या आव्हांनाक सामोरे वचपाक शक्य जातले, अशें केंद्रीय आयुषमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणी सांगले.

आयुषमंत्री हालीच संस्कृती भवनातल्या मल्टिपर्पज सभाघरात ग्रीन क्लबान वनस्पत, भलायकी आनी बागकाम ह्या विशयाचेर आयोजीत डॉ. आनंद जी. नाईक यादस्तीक परिसंवादाचे उकतावण केले उपरांत उलयताले.

संशोधनातल्यान वैजकीय मळावयले नवीन ज्ञान मेळयत रावपाची गरज आसून आयुष मंत्रालयान हे वर्स काळजा संबंदीत दुयेंसांक समर्पित केला. वनस्पत आनी वखदीं झाडांच्या लागवडीखातीर सरकार 75 टक्के अनुदान दिता, अशेंय श्री. नाईक हांणी सांगले.

ह्या वेळार ग्रीन क्लबाच्यो अध्यक्षा श्रीमती सुमन कुराडे, डॉ. संग्राम केसरीदास, श्री. नेवील आफोन्स, डॉ. मनीषा एस. आर. , श्री. राजेंद्र केरकार आनी हेर हजर आशिल्ले.

ग्रीन क्लबान आयोजीत केल्ल्या होम गार्डनर सर्तीच्या जैतवंतांक आयुष मंत्र्याहस्तुकीं इनामां भेटयली.

डॉ. संग्राम केसरीदास, डॉ. मनीषा एस. आर. , श्री. राजेंद्र केरकार हांणी वखदीं झाडां आनी उपचारांविशीं उलवप केले.

श्रीमती सुमन कुराडे हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्री. मिंगेल ब्रागांझा हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/145

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA